**सर्गेस्त दयानंद बांदोडकर हांच्या  पुण्यतिथी दिसा डॉ. रघुनाथ माशेलकर  हांचे व्याख्यान**

ता. 8 ऑगस्ट 2023

राज्य सरकारावतीन शेनवार ता. 12 ऑगस्ट 2023 दिसा गोंयचे पयले मुख्यमंत्री सर्गेस्त दयानंद बांदोडकर हांची 50 वी पुण्यतिथ पाळपात येतली. पुण्यतिथीनिमतान  सांजेच्या 5.00 वरांचेर पणजी जिमखाना, कांपाल पणजी हांगा डॉ. रघुनाथ माशेलकर, एफआरएस हांचे "एक प्रभावशाली प्रेरणास्त्रोत म्हूण नव भारताची उबारणी" ह्या विशयाचेर  यादस्तीक व्याख्यान आयोजीत केला. ह्या  कार्यक्रमाक मुख्यमंत्री आनी हेर मानेस्त उपस्थित रावतले.

गोंयचें सुपुत्र डॉ. रघुनाथ अनंत माशेलकर हे जागतिक दर्जाचे एक नामवंत शास्त्रज्ञ आसात.  डॉ. माशेलकर हांचे आंतरराष्ट्रीय शिक्षणीक आनी संशोधन समुदायाकडेन लागीचे संबंध आसात.  ते 1989-95 मेरेन  राष्ट्रीय  रसायनिक  प्रयोगशाळेचे  संचालक, 1995-2006 मेरेन CSIR चे महासंचालक,  2000-2018 मेरेन नॅशनल इनोव्हेशन फाउंडेशनचे अध्यक्ष आनी 2007-2017 मेरेन ग्लोबल रिसर्च एलायन्सचे अध्यक्ष आशिल्लें.  ते भारतीय राष्ट्रीय विज्ञान अकादमीचेय  अध्यक्ष आशिल्लें. डॉ. माशेलकर हे हार्वर्ड विद्यापीठ, डेलावेर विद्यापीठ, डेन्मार्क तंत्रज्ञान विद्यापीठाचे व्हिजिटिंग प्रोफेसर आनी सर लुईस मॅथेसन मोनाश विद्यापीठात मानाचे प्रोफेसर आशिल्लें.  भारतात ते आसाम विद्यापीठ, सिलचर, वैज्ञानिक आनी नाविन्य संशोधन अकादमी आनी इन्स्टिट्यूट ऑफ केमिकल टेक्नॉलॉजी आनी जिओ इन्स्टिट्यूटचे कुलपती आशिल्लें.

तशेंच भारतात म्हत्वाची धोरणां तयार करपात तांची म्हत्वाची भूमिका आसा. भारताच्या वैज्ञानिक सल्लागार परिषदेचे आनी प्रधानमंत्री नॅशनल इनोव्हेशन मंडळाचे ते वांगडी आशिल्लें. डॉ. माशेलकर हांकां अनेक पुरस्कांर फावो जाल्लें आसात. सगळ्यांत प्रतिशठीत TWAS-Lenovo विज्ञान पुरस्कार फावो जाल्लें ते पयले भारतीय आसात.  तशेंच तांका जागतिक विज्ञान अकादमीचोय पुरस्कार फावो जाला.  यूएस नॅशनल अ‍ॅकॅडमी ऑफ इन्व्हेंटर्सचे फेलो म्हूण निवड जावपी ते पयले भारतीय आसात. तांका जेआरडी टाटा कॉर्पोरेट लीडरशिप पूरस्कारय फावो जाला.

डॉ.माशेलकर हांणी कॉर्पोरेट जगात नवनिर्मितीक प्रोत्साहन दिला. तांणी रिलायन्स इनोव्हेशन कौन्सिल, केपीआयटी टेक्नॉलॉजीज इनोव्हेशन कौन्सिल, थर्मॅक्स इनोव्हेशन कौन्सिल, पर्सिस्टंट सिस्टम्स इनोव्हेशन कौन्सिल, मॅरिको फाउंडेशनच्या गव्हर्निंग कौन्सिलच्या अध्यक्षपदार काम केला.  सध्या ते रिलायन्सच्या न्यू एनर्जी कौन्सिलचे अध्यक्ष आसात.

डॉ. माशेलकर हांका  जगभरातल्या विद्यापीठांतल्यान 46 मानद डॉक्टरेट पदवी फावो जाल्यात. भारताच्या राष्ट्रपतींनी डॉ. माशेलकर हांका पद्मश्री (1991), पद्मभूषण (2000) आनी पद्मविभूषण (2014) अशें तीन सर्वोच्च नागरी पुरस्कारांनी सन्मानित केला. 2013 वर्सा तांका गोंयचो सर्वोच्च नागरी पुरस्कार "गोमंत विभूषण" भेटयला.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2023/618

--

------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.